**राष्ट्रीय लश्कर महाविद्यालय प्रवेश परीक्षा**

ता. 23 फेब्रुवारी 2022

देहराडून उत्तराखंड हांगाच्या राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयांत 8 वी इयत्ता वर्ग सत्र जानेवारी 2023 प्रवेशाखातीर चलें आनी चली विद्यार्थ्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. प्रवेश परीक्षा संबंदीत राज्यांतल्या निवडक केंद्रांचेर ता. 4 जून 2022 दिसा जातली.

प्रवेश परीक्षेखातीर उमेदवारांची पिराय 1 जानेवारी 2023 दिसा साडेअकरा वर्सां सकयल आसपाक जायना आनी तेरा वर्सां पूर्ण जाल्ली आसपाक जायना, म्हणजे उमेदवाराचो जल्म 2 जानेवारी 2010 पयली आनी 1 जुलय 2011 उपरांत जाल्लो आसपाक जायना.

आरआयएमसी प्रवेशावेळार म्हणजे 1 जानेवारी 2023 दिसा उमेदवार खंयच्याय मान्यताप्राप्त शाळेत 7 वीच्या वर्गात शिकपी आसपाक जाय वा 7 वी उत्तीर्ण जाल्लो आसपाक जाय.

गणीत, सर्वसामान्य ज्ञान आनी इंग्लिश विशयाची लेखी परीक्षा ता. 4 जून 2022 दिसा जातली. लेखी परीक्षेक पास जावपी उमेदवारांची सप्टेंबर 2022 च्या पयल्या सप्तकात तोंडी परीक्षा जातली. तोंडी परीक्षेची तारीख आनी वेळ उपरांत कळयतले. परीक्षेचो निकाल राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाच्या www.rimc.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर अपलोड करतले.

सध्या वर्सुकीं शुल्क सर्वसामान्य वर्गांखातीर 107500/- रूपया आनी एससी/एसटी उमेदवारांखातीर 93900/- रूपया आसा जी वाडपाक शकता. प्रवेशा वेळार 30,000/- रूपया सुरक्षा ठेव भरपाक जाय जी छात्र महाविद्यालयातल्यान पदवीधर जाल्या उपरांत परत करतले.

विहित नमुन्यातले प्रतीरूप अर्ज दोन पासपोर्ट आकाराची छायाचित्रां, उमेदवाराचो राबीतो दाखलो, जल्म दाखलो, एससी/एसटी दाखलो, छायाचित्रासयत जल्म तारीख आनी शिकपी वर्गाची प्रमाणीत म्हायती दिवपी शाळा मुख्याद्यापकाच्या मूळ दाखल्यासयत संबंदीत राज्य सरकाराकडेन ता. 25 एप्रिल 2022 मेरेन पावपाक जाय. अर्ज राज्य सरकाराक धाडपाक जाय, न्हय राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाक, हांची नोंद घेवची.

म्हायती पुस्तिका तथा विहित नमुन्यातले अर्ज आनी पोरण्या प्रस्नपत्रीकांची पुस्तीका सर्वसामान्य वर्गांतल्या उमेदवारांनी 600/- रूपया आनी एससी/एसटी उमेदवारांनी खातीर 555/- रूपया राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाच्या www.rimc.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर ऑनलायन भरून मेळोवची. तशेंच द कमांडंट, राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालय, देहराडून, स्टेट बँक ऑफ इंडिया, कोड- 01576, उत्तराखंड- 248003 ह्या नाम्याचेर वयल्या रक्कमेचो डिमांड ड्राफ्ट काडून मेळोव येता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/132

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji